**Panaji national news**

**25 may 2025,,6.30pm**

## मन की बात

संवसारभरांतल्या आतंकवादाआड झुजपाक ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान नवो आत्मविस्वास आनी उमेद मेळ्ळ्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार सशस्त्र दळांनी दाखयल्ल्या शौर्याची तोखणाय केली. ऑपरेशन सिंदूर हें फकत लश्करी मिशन न्हय, तर राष्ट्राच्या संकल्पाचें आनी धैराचें चित्र, अशें प्रधानमंत्रीन भर दिलो. हाका लागून पुराय देशांत देशभक्तीची भावना निर्माण जाल्या, अशें तांणी सांगलें. देशांतल्या जायत्या शारांनी, गांवांनी ,देशांतल्या सशस्त्र दळाक मान दिवपा खातीर हजारांनी लोक तिरंग हातांत घेवन तिरंगा यात्रा घडोवन भायर सरले.. ह्या काळांत जल्मल्ल्या भुरग्यांक बिहारांतल्या कटिहारांत, उत्तर प्रदेशांतल्या कुशीनगरांत आनी हेर जायत्या शारांनी ‘सिंदूर’ अशें नांव दिलां हाचीय ताणें दखल घेतली.

भारतीय सैनिकांनी, भारतांत तयार केल्ल्या शस्त्रां, उपकरणां आनी तंत्रगिन्यानान आतंकवादी तळ नश्ट केले अशें प्रधानमंत्रीन भर दिलो. हातूंत 'आत्मनिर्भर भारत' चो संकल्पय आस्पावता अशें तांणी सांगलें. हे मोहिमे उपरांत पुराय देशांत 'व्होकल फॉर लोकल' संबंदी एक नवी उर्जा दिसता अशें तांणी नदरेक हाडलें. देशांत तयार केल्ल्या उत्पादनांक प्राधान्य दिवचें अशें तांणी सगळ्यांनी उलो मारला. ही फकत अर्थीक आत्मनिर्भरतायेची गजाल न्हय, तर राष्ट्र निर्मितींत वांटो घेवपाची गजाल अशें तांणी मत मांडलें.

माओवादी वाठार गडचिरोलीच्या कटेझरी गांवांत पयलेच खेपे बस पावल्या प्रधानमंत्री मोदी हांणी समाधान उक्तायलें. ह्या गांवाचेर माओवादी हिंसाचाराची परिणाम जाल्ल्यान गांवांत बशी पयली केन्नाच वचूंक ना अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. छत्तीसगढच्या माओवादी वाठारांतल्या भुरग्यांक विज्ञानाची आवड आसा अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. छत्तीसगढच्या दंतेवाडा जिल्ह्याचे धावे आनी बारावे परिक्षेचे निकाल उत्कृश्ट जाल्यात हाची खोस प्रधानमंत्र्यान उक्तायली. माओवाद आशिल्ल्या दांतेवाडांत शिक्षणाचो ध्वज उंच उडटा असो अभिमान श्री मोदी हांणी उक्तायलो. हालीं आयोजीत

केल्ल्या रायजिंग नॉर्थ ईस्ट समिटाचेर उलयतना प्रधानमंत्री हांणी ईशान्य हो असामान्य आसा अशें सांगलें. सिक्किमाची परंपरा, विणपाची कला आनी फॅशन हांचो सोबीत संगम अशें सांगून तांणी क्राफ्ट फायबर्सचो उल्लेख केलो.

**परिशद**

राष्ट्रीय लोकशाय आघाडीचे मुख्यमंत्री आनी उपमुख्यमंत्री हांची दीसभर चलपी परिशद आयज नवी दिल्लींत जाली. हे बसकेचे अध्यक्षपद प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. ही परिशद बऱ्या प्रशासनाच्या प्रस्नांचेर दीसभर चलपी विचारमंथन सत्र आशिल्लें. भाजपा अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा, गृहमंत्री अमित शाह, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणीय ह्या विचारविनिमयांत वांटो घेतिल्लो.एनडीएच्या सगल्या 20 सरकारांतल्या वीस मुख्यमंत्री आनी 18 उपमुख्यमंत्रींनी बऱ्या प्रशासनाच्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. भाजपाच्या सुशासन खात्यान आयोजीत केल्ले हे बसकेंत दोन थाराव संमत जाले. पयल्या थारावांत तांणी भारतीय संरक्षण दळ आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां ऑपरेशन सिंदूरच्या यशा खातीर परबीं दिली आनी दुसर् या थारावांत केंद्र सरकारान फुडल्या जनगणनेच्या वेळार जातीगणना करपाचो निर्णय घेतिल्ल्या खातीर परबीं दिली.ह्या

परिशदेंतल्या फुडाऱ्यांनी वेगवेगळ्या एनडीए राज्य सरकारांनी केल्ल्या उत्तम पद्दतींचेरूय चर्चा केली. त्या त्या राज्य मुख्यमंत्र्यांनी आपल्या उपक्रमांचेर सादरीकरणांचें प्रदर्शन केलें.

**38वी बसका**

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्रालय फाल्यां नवी दिल्लीच्या विज्ञान भवनांत केंद्रीय अप्रेंटिसशिप काउन्सिलाची 38वी बसका आपयतले.कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांच्या अध्यक्षते खाला ऑक्टोबर 2024 वर्सा परतून स्थापन जाल्ली ही परिशद देशभरांतल्या अप्रेंटिसशिप प्रशिक्षणाक संबंदीत मुखेल धोरणां विशीं सरकाराक सल्लो दिवपाक म्हत्वाची भुमिका करता अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

**संवसारीक थायरॉयड दीस**

थायरॉयड विकारां विशीं जागृताय करपा खातीर, सुरवातीच्या निदानाक चालना दिवपा खातीर आनी थायरॉयड भलायकेचेर सक्रिय वेवस्थापन करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आयज संवसारभर संवसारीक थायरॉयड दीस मनयतात. थायरॉयडा संबंदीत खंयच्याय प्रस्नाचो दुबाव आसल्यार व्यक्तींक वैजकी मदत घेवपाची याद करून दिवपी हो दीस जाता.

थायरॉयड विकाराचीं सामान्य लक्षणां म्हळ्यार वजन वाडप वा उणें जावप, मानांत सुज वा गांठ येवप, थंडी वा उश्णतायेक संवेदनशीलताय, मनोवृत्ती बदलप, चिंता, उदासीनताय, मासिक पाळी अनियमीत जावप, केंस पातळ जावप वा केंस पडप, सतत थकवप.

आयोडीनयुक्त खाणां थायरॉयड हार्मोन तयार करपाखातीर गरजेचें आसता. नेमान तपासणी आनी, योग वा थायरॉयड भलायकेक आदार दिवपाक मदत करतात.